# स्वयंपूर्ण गोंय अभियाना अंतर्गत अस्नोडा पंचायत क्षेत्रांतले 300 लोक आत्मनिर्भर : मुख्यमंत्री

ता. 25 ऑगस्ट, 2021

आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय अभियाना अंतर्गत अस्नोडा पंचायत क्षेत्रांतले सुमार 300 लोक आत्मनिर्भर जाल्ले आसून स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाखाला आपरोजगार सुरू करपा खातीर स्वयंपूर्ण मित्रांनी थळाव्या लोकांक मदत करपाखातीर बरे काम केल्ल्याचे दिसून येता, अशें मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी आयज अस्ऩोडा बस स्टँड हांगा आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाखाला रोटरी क्लब म्हापसा हांच्या जोडपालवान आयोजीत मेगा भलायकी आनी वैजकी उपकरणां दान शिबीराच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

गोंय मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयताना आमी गोंय स्वयंपूर्ण करपा खातीर योगदान दिवपाक जाय. सरकाराच्यो कल्याणकारी येवजणो समाजातल्या निमाण्या मनशामेरेन पावोवपाखातीर आमी प्रयत्न करपाक जाय. आमचे सरकार जात, धर्म भेदभाव करीनासतना अंत्योदया तत्त्वाप्रमाण काम करता, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

अस्नोडा ग्रामपंचायत स्वयंपूर्ण करपाच्या दिकेन फुडाकार घेतिल्लेखातीर मुख्यमंत्र्यान रोटरी क्लब ऑफ म्हापसा, इनर व्हील क्लब म्हापसा आनी स्वयंपूर्ण मित्र श्रीमती ईशा सावंत हांची तोखणाय केली. सरकारान विंगड विंगड लोककल्याणकारी येवजणो सुरू केल्ल्यो आसून पंचायत सदस्य आनी युवकांनी अशां येवजणांविशीं लोकामदीं जागरुकताय करून लोकांक येवजणांचो लाव मेळोवन दिवपाखातीर मदत करपाची गरज आसा, अशें तांणी म्हणले.

आमदार श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी आपल्या भाशणात, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला स्वयंपुर्ण मित्रांची नेमणूक करून सरकारी येवजणो गरजू लोकांमेरेन पावोवपाखातीर योग्य पावल मारिल्ल्याचे म्हणले. तांणी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी कोवीड म्हामारी, चक्रीवादळ, हुवार अशा कठीण परिस्थिती वेळार केल्ल्या वावराचीय तोखणाय केली.

कार्यक्रमाक स्वयंपूर्ण मित्र श्रीमती ईशा सावंत, रोटरी क्लब म्हापसाचे अध्यक्ष श्री सिद्देश कोटकर, इनर व्हील क्लबाच्यो अध्यक्ष श्रीमती राजवी महाबल, श्री हरूण इब्राहिम, श्रीमती सपना मापारी आनी पंच वांगडी उपस्थित आशिल्ले.

शिबीरात वैजकी उपकरणां वाटपा सयत रक्ततपासणी, दोळे, मोतीबिंदू तपासणी, जाण्ट्यांक वक्लां , रक्तदान, गरजूंक व्हिलचॅर, दिश्टीहिनांक बडी, वॉकर, चलपाचे दांडे, आप मजत गटांक आटा चक्की यंत्र, अगरबत्ती तयार करपाचे यंत्र वाटप केले. तशेंच प्रधानमंत्री जीवन ज्योती विमा येवजण आनी प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजणेखाला नोंदणी केल्ल्या लोकांचो सत्कार केलो.

सुरवातीक श्रीमती ईशा सावंत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार श्री सिद्देश कोटकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/725

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji